Panaji National 21st January 2026 8.40am

- भारतीय जनता पक्षाचे कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नबीन हांची पक्षाचे नवे राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण निवड जाल्या.
- अरावली पर्वतरांगेत आशिल्ल्या कुंभलगड वन्यजीव अभयारण्य पर्यावरणदृष्ट्या संवेदनशील क्षेत्र म्हणून घोषित केला.
- भारतीय रेल्वेच्या 'वन स्टेशन वन प्रॉडक्ट' येवजनेक लागून एक लाखां मायज कारागिरांक फायदो जाला.
- केंद्र सरकारान केंद्रीय मोटार वाहन (द्वितीय दुरुस्ती) नियम, २०२६ अधिसूचित केला.
- भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं पांच मॅचींची टी-20 माळ आयच्यान सुरू जाता.

BJP Prez –
भारतीय जनता पक्षाचे कार्यकारी अध्यक्ष नितीन नबीन हांची पक्षाचे नवे राष्ट्रीय अध्यक्ष म्हूण निवड जाल्या. पक्षाचे राष्ट्रीय रिटर्निंग अधिकारी डॉ. के. लक्ष्मण हाणी काल नवी दिल्लीती भाजप मुख्यालयात 'संघटन पर्व' कार्यक्रमात नबीन हांच्या नियुक्तीची घोषणा केली. भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय मंत्री अमित शाह, राजनाथ सिंग, जेपी नड्डा आनी नितीन गडकरी हांणी नबीन हांकां परबी दिली. ह्या वेळार नबीन हांका परबी दितना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळें Byte
नबिन हांका परबी दितना केंद्रीय मंत्री J P नडडा हाणी म्हळे Byte

Aravali –
पर्यावरण, रान आणि हवामान बदल मंत्रालयान अरावली पर्वतरांगेत आशिल्ल्या कुंभलगड वन्यजीव अभयारण्याक पर्यावरणदृष्ट्या संवेदनशील क्षेत्र म्हणून घोषित

करपी अधिसूचना जारी केल्या. पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां, हाका लागून ह्या वाठारांतल्या वनस्पत आनी रानवटी वन्यजीवांचे संरक्षण करपाक मदत जातलीच पूण थळाव्या समाजांकय आदार मेळटलो. कुंभलगड अभयारण्याचो एक किलोमीटरचो परिसर अनेक वन्यजीव प्रजातींखातीर नैसर्गिक अधिवास आशिल्ल्याचे तांणी म्हळें. सेंद्रीय शेती सारकिल्या पर्यावरणाक अनुकूल आनी समुदाय-केंद्रित यत्नांक चालना दितले अशें यादव हांणी सांगलें.

EU –

भारत आनी युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलात करपाचे उंबरठ्याचेर आसात अशें युरोपीय आयोगाचो अध्यक्ष उर्सुला फॉन डर लायन हांणी सांगलां. तांणी ह्या कराराचें वर्णन “सगल्या करारांची जननी ” अशें केलें. स्वित्झर्लंडांतल्या दावोस शारांत काल संवसारीक अर्थीक मंचात उलयतना डावोसा उपरांत फुडल्या सप्तकाच्या अखेरेक भारताक भेट दितली अशें लायन हाणी सांगलें. पूण हे बाबतींत अजूनय काम उरलां अशें तिणें सांगलें.

हाका लागून दोन अब्ज लोकांची बाजारपेठ तयार जातली, जो संवसारांतल्या जीडीपीचो सुमार एक चतुर्थांश वांटो आसा अशें तिणें स्पश्ट केलें.

युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो कोस्टा आनी लायन 25 ते 27 जानेवारी मेरेन भारत भोंवडेर येतली. अंदूच्या प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावळींत ती मुखेल सोयरी आसतली. तशेंच भारत-युरोपीय संघ शिखर परिशदेची ती सह-अध्यक्षता करतली.

AI –

भारतांत अंदू 16 ते 20 फेब्रुवारी मेरेन नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत एआय इम्पॅक्ट समिट जातलें. ग्लोबल साउथांतली ही पयली जागतीक आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स (एआय) परिशद आसतली. ह्या परिषदेत जागतीक फुडारी, धोरणकर्ते,तंत्रज्ञान कंपनी, नवनिर्माण करपी आनी तज्ञ एकठांय येवन शासन, नवकल्पना आणि शाश्वत विकास या क्षेत्रांतली AI च्या परिवर्तनकारी क्षमतेचे प्रदर्शन आणि ताचेर सखोल चर्चा करतले.

Railway –

थळाव्या शिल्प कौशललाक  चालना दिवपा खातीर आनी शाश्वत उपजीविका निर्माण करपा खातीर भारतीय रेल्वेची "एक स्टेशन एक उत्पादन" येवजण एक म्हत्वाचो उपक्रम म्हणून उदेला. रेल्वे मंत्रालयान म्हळां  ही येवजन २००० मेज रेल्वे स्थानकां मेरेन विस्तारित केल्या, जाका लागून  १,३२,००० मायज कारागीर, विणकार आणि लहान उत्पादकांक फायदो जाला.

वेपार आनी संस्कृताय हांचो मेळ घालून रेल्वेन स्टेशनांचें रुपांतर थळाव्या उद्देगाचें केंद्रात केलां अशें मंत्रालयान सांगलें. वन स्टेशन वन प्रोडक्ट उपक्रम समुदायांक सशक्त करून आनी भारताची गिरेस्त पारंपारीक कारागिरी तिगोवन दवरून व्हॉकल फॉर लोकलाची भावना प्रतिबिंबीत करता.

VP –

उपराष्ट्रपति सी. पी. राधाकृष्णन आज कर्नाटकाक भेट दितले. ते तुमकुरुत श्री सिद्धगंगा मठात श्री शिवकुमार महास्वामीजींच्या ७ व्या स्मृतिदिन कार्यावळींत मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. उपराष्ट्रपती बेंगळुरूत सीएमआर इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजीच्या रौप्य महोत्सवी कार्यावळींतूय हजर रावतले.

EC SIR –

वेंचणूक आयोगान खाशेल्या सघन सुदारणा सुरु आशिल्ल्या राज्यांनी आनीक 22 रोल निरिक्षकांची नेमणूक केल्या. तातूंतले इकरा नवे नियुक्त निरिक्षक अस्तंत बंगालांत आसात, जाका लागून राज्यांतल्या रोल निरिक्षकांचो आकडो 20 जाला. ह्या निरिक्षकांनी खंयचोच पात्र मतदार वगळचो ना आनी खंयचीच अपात्र नांवां वळेरेंत जोडचीं ना हाची खात्री करतले.

BJP Kerala -

भाजपाचे अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी येता त्या केरळ विधानसभा वेंचणुके खातीर विनोद तावडे हांची वेंचणूक प्रभारी म्हणून जाल्यार सोभा करंदलाजे हांची वेंचणूक सह-प्रभारी म्हणून नेमणूक केल्या.

मजगतीं, नबीन हांणी येता त्या तेलंगणा नगरपालिका आनी महानगरपालिका वेंचणुके खातीर आशीष शेलर हांकां वेंचणूक प्रभारी आनी रेखा शर्मा आनी अशोक परनामी हांची वेंचणूक सह-प्रभारी म्हणूनय नेमणूक केल्या.

Centre Motor –
राष्ट्रीय महामार्गांवेल्या टोल प्लाझांचेर वापरकर्तो शुल्क भरपाबाबतची अनुपालन व्यवस्था आनीकूय घटमुट करपाखातीर केंद्र सरकारान केंद्रीय मोटार वाहन (द्वितीय दुरुस्ती) नियम, २०२६ अधिसूचित केला. वापरकर्तो शुल्क भरपाचे अनुपालन सुधारप, इलेक्ट्रॉनिक टोल संकलनाची कार्यक्षमता वाडोवप आनी राष्ट्रीय महामार्गांवेल्या टोल चुकवेगिक आळा घालप हो या दुरुस्त्यांचो हेत आसा.
रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्रालयान सांगलां, ह्यो दुरुस्त्यो भारतीय राष्ट्रीय म्हामार्ग प्राधिकरणाक पारदर्शक आनी तंत्रज्ञानाचेर आदारिल्ली टोलिंग पद्दत तयार करपाक मदत करतली, आनी देशभरांतल्या राष्ट्रीय म्हामार्ग जाळ्याची शाश्वत उदरगत आनी देखरेखींतय योगदान दितली.

Scindia –
केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य एम.सिंडिया हांणी काल नवी दिल्लींत चालू अर्थीक वर्साच्या तिसऱ्या तिमाहींतल्या बीएसएनएलाच्या कामगिरीचो नियाळ घेतलो. बसके वेळार मंत्रीन मोबायल नेटवर्क उपलब्धताय आनी मिन टाइम टू रिपेअर (Mean Time to Repair) सयत सेवा दर्ज्याच्या मुखेल मापदंडांचो नियाळ घेतलो. मोबायल बेस ट्रान्ससीव्हर स्टेशनांत तिमाही-दर-तिमाही म्हत्वाची सुदारणा दाखोवपी जायत्या दूरसंचार मंडळांच्या कामगिरीची तांणी दखल घेतली.

NCR –
केंद्रीय पर्यावरण मंत्री भूपेंद्र यादव हाणी काल राष्ट्रीय राजधानी वातारातले (एनसीआर) रोहतक, मानेसर, पानिपत आणि कर्नाल ह्या वाटारातली वायु प्रदुशणाक तोंड दिवपा खातीर कृती योजनांचो सविस्तर नियाळ घेवपा खातीर एका बसकेची सह येजमानकी चलयली.

NCDS –
राष्ट्रीय धरण सुरक्षा समिती (NCDS)ची 11वी बसका काल नवी दिल्लींत जाली. हे बसकेंत NCDSचे अध्यक्ष अनुपम प्रसाद हांणी फाटल्या चार वर्सांत राष्ट्रीय धरण सुरक्षीतताय प्राधिकरणाच्या कामगिरीचेर भर दिलो. तशेंच धरण सुरक्षेच्या मळार आव्हानां सोडोवपा खातीर एनडीएसएन हातांत घेतिल्ल्या वेगवेगळ्या उपक्रमांचेरूय तांणी भर दिलो.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (आयएमडी) फुडले दोन दीस हरियाणा, पंजाब आनी चंडीगढाचेर सकाळीं आनी रातच्या वेळार दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. आयज हिमाचल प्रदेशांत कुडकुडयाचे शि पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.

Khelo –

खेळो इंडिया शिंयाळी खेळां 2026 काल लेहच्या एनडीएस स्टेडियमांत सुरू जाले. उक्तावण सुवाळ्याक लद्दाखचे नायब राज्यपाल कविंदर गुप्ता हाजीर आशिल्ले.

T20 –

भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं पांच मॅचींची टी-20 माळ आयच्यान सुरू जाता. पयली टी-20 मॅच आज नागपूरच्या विदर्भा क्रिकेट असोसिएशन स्टेडियमांत सांजवेळा 7 वरांचेर सुरु जातली.